पणजी नॅशनल

16.06.2026 @ 8.40 am

नमस्कार आकाशवाणी पणजी प्रादेशिक खबरा विभाग वरवी dk तुमका राष्ट्रीय खबरो दिता

हयो आसात काय मुखेल खबरो

- भारताच्या नवीकरणीय उर्जा क्षेत्राक व्हड चालना दित केंद्रीय नवी आनी नवीकरणीय उर्जा मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी विंड टर्बाइन SUPPLY चेन मॅनेजमेंट' (wt-मारुत) पोर्टलाचें उक्तावण केलें.
- स्लोव्हाकियाचे राष्ट्राध्यक्ष पीटर पेलेग्रिनी यांनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीक स्लोव्हाकियाचो सर्वोच्च राज्य सन्मान, 'द ऑर्डर ऑफ द व्हाईट डबल क्रॉस, फर्स्ट क्लास' प्रदान केला
- काल फ्रांसांतल्या एव्हियन शारांत जी-7 ची बावनावी शिखर परिशद सुरू जाली आनी संवसारांतल्या मुखेल अर्थवेवस्थेच्या फुडाऱ्यांनी आंतरराष्ट्रीय मुखेल आव्हानां विशीं चर्चा केली
- 2026 वर्साच्या फिफा विश्वचषकांत इतिहासीक पदार्पण केल्ल्या ल्हानशा केप व्हर्दे पंगडान संवसारीक दर्ज्याच्या बळिश्ट स्पेन आड 0-0 अशी बरोबरी करून असाधारण कामगिरी केली.

आता पुराय खबरो

जोशी २४०

भारताच्या नवीकरणीय उर्जा क्षेत्राक व्हड चालना दित केंद्रीय नवी आनी नवीकरणीय उर्जा मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी काल गोंयांत जाल्ल्या 'ग्लोबल विंड डे 2026' राष्ट्रीय परिशदे वेळार 'विंड टर्बाइन SUPPLY चेन मॅनेजमेंट' (wt-मारुत) पोर्टलाचें उक्तावण केलें. नव्या आनी नवीकरणीय उर्जा मंत्रालयान आनी इंडियन विंड टर्बाइन मॅन्युफॅक्चरर्स असोसिएशनान संयुक्तपणान तयार केल्लें 'WT-MARUT हे वाऱ्याची उर्जा पुरवण साखळी सुव्यवस्थित करपाच्या उद्देशान तयार केल्ले हें देशांतलें पयलेच समर्पित डिजिटल पोर्टल आसा. हो उपक्रम घटक खरेदींत पारदर्शकता हाडटलो, घरगुती पुरवणदारांक सोंपेंपणान प्रवेश दितलो आनी डेटा सुरक्षीतताय वाडयतलो; जाकालागुन सरकारच्या 'आत्मनिर्भर भारत' या संकल्पनेक अधिक बळ मेल्तले. वाऱ्याच्या उर्जा क्षेत्रांत भारताची नेटान जावपी प्रगतीचेर भर दिलो. 2025-26 वित्तीय वर्सा देशांत विक्रमी 6.1 गीगावॅट वाऱ्याची उर्जा क्षमता जोडल्या आनी वर्सुकी तत्वाचेर शेचालिस टक्क्यांनी वाड नोंद केल्या अशें तांणी नदरेक हाडलें. वट्ट स्थापन केल्ली वाऱ्याची वीज क्षमता शाप्प्न पूज्य एक गीगाWATT हुंपून भारतान संवसारांतलें चवथें व्हडलें वाऱ्याच्या उर्जेचें बाजारपेठ म्हणून आपली सुवात आनीक घटमूट केल्या अशे हया कार्यावलित उलयतना जोशी हानि सांगले.तशेंच हया अर्थीक वर्सा वाऱ्याच्या टर्बाइन आनी संबंदीत घटकांची निर्यात 12 हजार कोटी रुपया हुंपल्या अशें सांगून संवसारीक नवीकरणीय उर्जा उद्देगांत भारताचें वाडट्या म्हत्वाचेर भर दिला.

स्लोव्हाकिया 90

स्लोव्हाकियाचे राष्ट्राध्यक्ष पीटर पेलेग्रिनी यांनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीक स्लोव्हाकियाचो सर्वोच्च राज्य सन्मान, 'द ऑर्डर ऑफ द व्हाईट डबल क्रॉस, फर्स्ट क्लास' प्रदान केला. या विशेष सन्मानाबद्दल प्रधान मंत्री मोदीनी स्लोव्हाकियाचे राष्ट्राध्यक्ष, थयचे सरकार आणि जनता यांचे मनापासून आभार मानले. हो पुरस्कार स्वीकारताना त्यांनी नमूद केले की, हो सन्मान म्हणजे भारताचि १४० कोटी जनता आणि भारत अणि स्लोव्हाकिया मदल्या इष्टगतीच्या दृढ बंधाक ओपलेली मान/वंदना आसा.

हे भारत आनी स्लोव्हाकियाच्या लोकांक बांदून दवरपी मोग, विस्वास आनी मोगाचें प्रतीक अशें सांगून प्रधानमंत्री मोदी हांणी हो भोवमान दोनूय देशांच्या फुडल्या पिळग्यांक आपली खाशेली इश्टागत घटमूट करपाची प्रेरणा दितली अशी आस्त उक्तायली. आणि समजिकायेच्या कबलाती वरवीं दोन देशां मदीं सहकार्याचे नवे मार्ग उक्ते जातले अशें म्हणले **Byte**

G7 110

काल फ्रांसांतल्या एव्हियन शारांत जी-7 ची बावनावी शिखर परिशद सुरू जाली आनी संवसारांतल्या मुखेल अर्थवेवस्थेच्या फुडाऱ्यांनी आंतरराष्ट्रीय मुखेल आव्हानां विशीं चर्चा केली. फ्रान्सचे राष्ट्राध्यक्ष इमॅन्युएल मॅक्रॉन हानि "मुखेल आंतरराष्ट्रीय आव्हानांक तोंड दिवपाक एकठांय काम करप" ह्या विशयाचेर खासा स्नेह/भोजनाचे आयोजन केलें. हाचे आदीं मॅक्रॉन हानि जी-7 देशांच्या फुडाऱ्यांक औपचारीक येवकार दिलो- तातूंत अमेरिकेछे राष्ट्रश्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प आनी ब्रिटनचे प्रधानमंत्री किर स्टारमर हांचो आस्पाव आशिल्लो. युरोपीय आयोगाची अध्यक्ष उर्सुला वॉनडेर/लेयन आनी युरोपीय काउन्सिलाचे अध्यक्ष अँटोनियो कोस्टा हेय ह्या शिखर सभेंत वांटो घेतात. तीन दिसांच्या ह्या शिखर सभेंत संवसारीक असंतुलन उणें करप, मुखेल भू/राज/नीतीक संकश्टां, भुरग्यां संबंदीत प्रस्नांचेर उपाय काडप, संघटीत गुन्यांव आनी बेकायदेशीर अर्थीक प्रवाह हांचे आड झूज घटमूट करप हाचेर भर दितले असो अदमास आसा.

संसद 70

केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्रालय नवी दिल्लींत ‘विकसीत भारत युवा संसद 2026’ घडोवन हाडटा. लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला आयज राष्ट्रीय पांवड्यावेल्या ‘विकसीत भारत युवा संसदेचें’ उक्तावण करतले. हो उपक्रम लोकशाही प्रक्रियेत तरणांट्यांच्या सहभागाची नव्यान मांडणी करता आणि तरणाट्या नागरिकांक प्रशासन, धोरणांवेली चर्चा आणि संसदीय कामकाज हाचो प्रत्यक्ष अनुभव घेवपाची संधी दिता अशें मंत्रालयान सांगलें. तशेंच ‘विकसीत भारत युवा संसद’ ही

भारतांतल्या तरणाट्यांची उर्जा, विचार आनी आकांक्षा राष्ट्रीय संवादाच्या प्रवाहात हाडपी चळवळ आसा.

HEMBRAM 30

अर्जुन चरण हेम्ब्रम हे ओडीशातले संताली भाषेचे बरोवपी अणि शिक्षक तशेच आदिवासी सांस्कृतिक कार्यकर्ते. संताली भाशेचो विकास प्रसार अणि संस्कृतीचे जतन हच्या योग्दाना खातिर tanka २०२६ वर्साचो सर्वोच्च
नागरी पुरस्कार पद्मश्री फाव जाला

'अगथियार 80

देशाची एकता ही हालीच्या काळातली संकल्पना न्हय तर, ती हजारांनी वर्सांसावन ऋषीमुनी आणि प्रगल्भ विचार/वंतांनी सांबाळलेली एक प्राचीन आणि सांस्कृतिक वास्तवता आसा अशे नवी दिल्लीत उपराष्ट्रपती भवनात (Agatthiyar – The Unifier) या पुस्तकाचे प्रकाशन करताना उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन यांनी म्हटले. हे पुस्तक ऋषी अगथियार हांचे चिरंतन दायज आणि भारताK एकासूत्रात गुंथपी खोल रुजलेली सांस्कृतिक एकता अधोरेखित करता असे उपराष्ट्रपतींनी सांगले. देशाच्या सांस्कृतिक आणि आध्यात्मिक एकतेचे एक महान प्रतीक म्हणून ऋषी अगथियार यांचे स्थान अद्वितीय आसा, अशेय त्यांनी नमूद केले.

फिफा 130

2026 वर्साच्या फिफा विश्वचषकांत इतिहासीक पदार्पण केल्ल्या ल्हानशा केप व्हर्दे पंगडान संवसारीक दर्ज्याच्या बळिश्ट स्पेन आड 0-0 अशी बरोबरी करून असाधारण कामगिरी केली. ह्या सर्तींत आतां मेरेन केप व्हर्देन सगळ्यांत व्हडलो धक्को दिला. मजगतीं, आयज सकाळीं अमेरिकेंतल्या MIAMI स्टेडियमाचेर गट एचच्या सुरवातीच्या मॅचींत साउदी अरेबिया आनी उरुग्वेची 1-1 अशी बरोबरी जाली. हाचे आदीं सिएटल स्टेडियमाचेर जाल्ल्या गट जी/च्या सुरवातीच्या मॅचींत बेल्जियम आनी इजिप्तांचीय 1-1 अशी बरोबरी जाल्ली.

हवामान 50

भारतीय हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, बिहार, केरळ आनी माहे, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगा काय सुवातांनी पावस पडपाचो अदमास काडला. तेच प्रमाण आयज झारखंड, कोंकण आनी गोंय, मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र, ओडिशा, पंजाब, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, तेलंगना, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम ह्या वाठारांनीय अशीच हवामानाची परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा.

आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- भारताच्या नवीकरणीय उर्जा क्षेत्राक व्हड चालना दित केंद्रीय नवी आनी नवीकरणीय उर्जा मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी विंड टर्बाइन SUPPLY चेन मॅनेजमेंट' (wt-मारुत) पोर्टलाचें उक्तावण केलें.
- स्लोव्हाकियाचे राष्ट्राध्यक्ष  पीटर पेलेग्रिनी यांनी प्रधानमंत्री  नरेंद्र मोदीक स्लोव्हाकियाचो सर्वोच्च राज्य सन्मान, 'द ऑर्डर ऑफ द व्हाईट डबल क्रॉस, फर्स्ट क्लास' प्रदान केला
- काल फ्रांसांतल्या एव्हियन शारांत जी-7 ची बावनावी शिखर परिशद सुरू जाली आनी संवसारांतल्या मुखेल अर्थवेवस्थेच्या फुडाऱ्यांनी आंतरराष्ट्रीय मुखेल आव्हानां विशीं चर्चा केली
- 2026 वर्साच्या फिफा विश्वचषकांत इतिहासीक पदार्पण केल्ल्या ल्हानशा  केप व्हर्दे पंगडान संवसारीक दर्ज्याच्या बळिश्ट स्पेन आड 0-0 अशी बरोबरी करून असाधारण  कामगिरी केली.

आणि इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुकहेवेळे राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूक मीलटले सांजेच्या 6 वरा तीस mintancher नमस्कार